Panaji Regional
1st October 2025 7.25am

CM Mhaje ghar – 125

म्हाजे घर येवजणे खाला अर्जदारां खातीर  जमनीचे दरांक गोंयच्या मंत्रीमंडळान काल मान्यताय दिली. 2014 वर्सा पयलीं अतिक्रमण केल्ली सरकारी जमनीचेर सकयल दिल्ल्या रचणुके प्रमाण शुल्क भरले उपरांत पयल्या वर्गाचे सनद दितले.1972 पयलीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या घरांक दर चौखण मिटराक 25 रुपया शुल्क आकारतले. तशेंच 1973 ते 86 मजगतींच्या घरांक प्रती चौरस मिटर सर्कल रेट म्हळ्यार उण्यात उणें जमीन दराची 50 टक्के रक्कम. जाल्यार 1987 ते 2000 ह्या काळांत बांदिल्ल्या घरांक दर चौखण मिटराक उण्यांत उण्या वर्तुळ दराच्या 75% शुल्क आकारतले.2001 ते 2014 ह्या काळांत बांदिल्ल्या घरांक सर्कल दरा प्रमाण उण्यांत उणो जमनीचो दर फारीक करचो पडटलो.पात्र अर्जदारांक 400 चौखण मीटर सुवातीची मर्यादा आसा.

कम्युनिदाद जमनीचेर अतिक्रमणां खातीर वर्सा प्रमाण दर थारायल्यात.अर्जदारांनी दिल्ले पयशे थेट त्या त्या कम्युनिदादीच्या खात्यान जमा करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिली. byte

CM - Amit Shah -30

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हांच्या हस्तुकी 4 ओक्टोबरांकम्हजे घर येवजणेचें उक्तावण जातलें. तशेंच virtual माध्यमातल्यान 18 प्रकल्पाचो बुनयादी फातर घालतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.   Byte

Swastha Nari – 90

स्वस्थ नारी साशक्त परिवार अभियानाचो एक भाग म्हूण फोंडाच्या उप जिल्लो हॉस्पिटलांत भलायकी शिबिर जाले. ह्या वेळार जाल्ल्या कार्यक्रमात फोंडाच्या उप जिल्लो हॉस्पिटलाची वैजकी अधीक्षक डॉ.जयश्री मडकईकर, आणि वैजकी कर्मचारी हाजिर अशिलले.

बायलांची भलायकी, समाजीक सहभाग आनी कुटुंबीक बरेपण वाडोवपाक अशा उपक्रमांची म्हत्वाची भुमिका आसता अशे डॉ.जयश्री मडकईकर हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगले. ह्या शिबिरांत बायलां खातीर वेगवेगळीं भलायकी चांचण्यो केल्ल्यो. उपस्थित कर्मचाऱ्यांनी तांका वेगवेगळी भलायकी सेवा दिल्यो.

-----------------------------

BSNL – 40

राज्यांत फोर जी टोवर्स उबारपा खातीर गांवगिऱ्या वाठारांतल्या 52 गांवांची निवड बीएसएनएलान  केल्या. तातुंतल्या 30 गांवांनी 4जी सेवा कार्यरत जाल्या. ते भायर 191 ग्रामपंचायतींनी भारत नॅट प्रकल्पाखाला ऑप्टिकल फायबर इंटरनॅट जोडणी दिल्या, अशी म्हायती भारत संचार निगम लिमिटेडचे  सरवेवस्थापक एल. बी. लाल हांणी दिल्या.

-----------------------------

DIP – 70

समाज कल्याण संचालनालयाचे वतीन आज 1 ऑक्टोबराक फोंड्या राजीव गांधी कला मंदीरात आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरीक दीस मनयतले. सकारळीं 10.30 वरांचेर कार्यावळीक सुरवात जातली. हे कार्यावळींत 70 वर्सा पिराये वयल्या 14 उत्कृश्ट ज्येश्ठ नागरिकांचो शाल, श्रीफळ, प्रशस्तीपत्र, यादस्तीक आनी रोख 5 हजार रुपया भेटोवन सत्कार करतले. कार्यावळीक कृशी मंत्री रवी नायक, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय, समाज कल्याण सचीव सरप्रित सिंग गील आनी संचालक दीपक देसाय हाजीर आसतले.

-----------------------------

AIR Hindi Pakhvada – 70

हिंदी पखवाडा २०२५ चो बक्षीस वितरण आणि समारोप सुवाळो काल आकशवाणी पणजी आणि बांबोळे जालो. ही कार्यावळ आनी पुराय हिंदी पखवाडा, सहाय्यक संचालक (राजभास), पीयूष गौतम हांणी घडोवन हाडली. ह्या कार्यावळीची येजमानकी  उपमहासंचालक आनी क्लस्टर मुखेली संदीप श्रीवास्तव हांणी चलयली. ह्या कार्यक्रमांत मुखेल सोयरो म्हूण मुखेल वैजकी अधिकारी डॉ.दीपक बोरकार हांकां आमंत्रित

केल्ले. समारोप आनी इनामां वांटपाच्या सुवाळ्यांत हिंदी पखवाडा - 2025 वेळार जाल्ल्या वेगवेगळ्या सर्तींच्या जैतिवंतांक इनामां आनी प्रमाणपत्रां दिली.

-----------------------------

DIP – 80

अबकारी आयुक्ताच्या कार्यालयान फाल्या 2 ऑक्टोबराक महात्मा गांधी जयंती दिसाच्या फांटभूंयेर राज्यांतली सगळीं सोरो विक्री दुकानां आनी आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश दिला.

राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांका आदर म्हूण आनी तांका आर्गां ओपपा खातीर गृह खात्यान फाल्या 2 ऑक्टोबराक राज्यांतले सगळें कासिनो बंद दवरपाचो आदेश दिला.

1 आनी 2 ऑक्टोबराच्या मध्यान राती सावन म्हणजे 12.00 वरा सावन ते 2 आनी 3 ऑक्टोबराच्या मध्यान राती मेरेन म्हणजे 12.00 वरा मेरेन 24 वरां खातीर राज्यांत चलपी सगळें कासिनो बंद आसतले.

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

Cricket – 10

आयसीसी बायलांच्या विश्वचषक 2025 च्या मोहिमेक भारतान श्रीलंके आड जैत मेळोवन सुरवात केली.